# <u>पेडण्या आयुर्वेदीक न्युरो थेरपी वैजकी शिबीराचें उक्तावण</u>

४ सप्टेंबर २०१८
भाद्रपद १३,१९४०

पर्यटन मंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांच्या हस्तुकी काल पेडणेच्या संत सोहिरोबानाथ आंबिये सरकारी कला आनी वाणिज्य महाविद्यालय प्रकल्पांत मातृभुमी सेवा प्रतिश्ठान गोंय, डॉ. मनोज शर्मा आयुर्वेदीक न्युरो हॉस्पीटल आनी रिसर्च सेंटर, संत सोहिरोबानाथ आंबिये सरकारी कला आनी वाणिज्य महाविद्यालय, पेडणे, हरमल पंचक्रोशी शिक्षण मंडळ, लोकमान्य गणेशोत्सव विश्वस्त मंडळ, पेडणें, भलायकी सेवा संचालनालय (आयुश विभाग) आनी साण्डू फार्मासुटीकल लिमीटेड हांच्या जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या स दिसांच्या फुकट मेगा आयुर्वेदीक न्युरो थेरपी वैजकी शिबिराचें उक्तावण जालें.

फुकट मेगा आयुर्वेदीक न्युरो थेरपी वैजकी शिबिरांत न्युरो थेरपी, कॅपींग थेरपी, ऍक्युपंक्चर, ऍक्युप्रेशर आनी अग्नीकर्मा ह्या सारक्या वैजकी सुविधांचो आसपाव आसा.

ह्या सुवाळ्याक माजी मुख्यमंत्री श्री. लक्ष्मीकांत पार्सेकार, श्री. अरूण बांदकार, श्री. रमेश सावळ, जिल्लो पंचायत सदस्य श्री. तुकाराम हरमलकार, विर्नोडा सरपंच श्री. भारत गावडे, संत सोहिरोबानाथ आंबिये सरकारी कला आनी वाणिज्य महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ.मॅन्डीस, डॉ. वासुदेव देशप्रभु आनी गोंय मातृभुमी सेवा प्रतिश्ठानाचे सरचिटणीस श्री. सुरज नायक हाजीर आसले.

श्री. आजगांवकरान आपल्या उलोवपांत आयुश मंत्री श्री. श्रीपाद नायक हांणी फुडाकार घेवन गोंयात असल्या वैजकीय शिबिराचे आयोजन केल्ल्या बद्दल तांची तोखणाय केली. भलायकी ही आमची संपत्ती आसा आनी ती निरोगी राखपा खातीर लोकांनी अशा शिबिरांचो जाता तितलो फायदो घेवचो अशे श्री. आजगांवकर हांणी सांगले.

श्री. पार्सेकारान आपल्या उलोवपांत म्हणलें, हेर राज्यां कडेन तुलना केल्यार गोंयची भलायकी संबंदीत सेवा खूब बरी आसा. फुडें तांणीं असल्या शिबिराक लागून फुडाराक आयुर्वेदीक सेवा खूब नामनां जोडटले अशें म्हणलें.

श्री. सदानंद सावळ हांणीं सुत्रसंचालन केले जाल्यार श्री. सुरज नायकान उपकाराचें उलोवप केले.